प्रदेशीक खबरो

०७.०३.२०२६ @ ७.२०pm

- 12 खण ब्लॉकांचे लिलाव केल्या उपरांत गोंय सरकाराक 252.83 कोटी रुपया मेळळयात अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिल्या
- गोंय विभागाच्यो टपाल कागाळी १२ मार्च मेरेन पणजेतल्या पोस्ट मास्टर जनरल कार्यालयांत सादर करच्यो अशे टपाल विभागांन मागलां.
- ओस्सय ओस्सयच्या गजरात व्हडा थाटामाटान पणजे शारात आयज शिगमो मिरवणूक सूरु जाली
- मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आणि भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे यांच्या फुडार पणा खाला, आंतरराष्ट्रीय बायला दिसा निमित्त, फाल्या बायला खातीर भलायकी विशेष तपासणी शिबिरा आयोजित केल्यात

12 खण ब्लॉकांचे लिलाव केल्या उपरांत गोंय सरकाराक 252.83 कोटी रुपया मेळळयात अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी शुक्रारा 2026-27 वर्साचें राज्य अर्थसंकल्प विधानसभेंत सादर करतना सांगलें.दीवचल, शिरगांव-मये, अडवलपाल-थिवी, आनी कुडने-कोर्लीम हांगा आशिल्ले लिलावांतले पांच ब्लॉक पयलींच सुरू जाल्यात अशें सावंत हांणी सांगलें.राज्य अर्थसंकल्पांत खण खात्या खातीर वट्ट 26 कोटी रुपयांची तजवीज केल्या अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या.उरिल्ले सात ब्लॉक पर्यावरण मंजुरी आनी हेर वैधानीक परवानगी घेवपाचे प्रक्रियेंत आसात अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.तशेंच सरकार चड ब्लॉक लिलाव करपा खातीर चवथी नोटीस आमंत्रण निविदा (एनआयटी) आनी ताचे खातीर ई-लिलावाचो दुसरो टप्पो सुरू करपाचे प्रक्रियेंत आसा अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या. तशेंच खण वेवसायातल्या ट्रक वेवसायिकांक अर्थीक आदार दिवपा खातीर खण प्रभावित ट्रीपर ट्रक मालकांक green tax आनी फिटनेस शुल्क परत करप ही येवजण चालू दवरपाची घोशणा सावंत हांणी केल्या, हे खातीर अर्थसंकल्पात 4 कोटी रुपयांची तरतूद केल्ल्याची म्हायती तांणी दील्या.

गोंय अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयांत तीन कोटी रुपया खर्च करून धातुक ग्रेड चांचणी प्रयोगशाळा स्थापन करपाचोय प्रस्ताव सरकारान मांडला अशें तांणी सांगलें.ते भायर खण क्षेत्राचो परिणाम जाल्ल्या बार्ज मालकांक वित्तीय संस्थां वरवीं रीण दिवपाची येवजण राज्यान सुरू करपाची येवजण आंखल्या, जाका लागून तांकां तांचीं जहाजां दुरुस्त करपाक मेळटलीं अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

हो अर्थसंकल्प सर्वसमावेशक, लोकाभिमुख, अर्थीक नदरेन उदरगतीचो, तशेंच विकसीत गोंय नदरे मुखार दवरून केला अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

2026-27 वर्सा खातीर 30195 कोटी रुपयांचो हो अर्थसंकल्प आसा. 1666 कोटी रुपयांच्या शिलकी अर्थसंकल्पांत येता त्या वर्सात 29181 कोटींचो महसूल मेळपाची आस्त आसा.जाल्यार राज्याचो दरडोई जीएसडीपी 8.18 लाख आसून 2026 - 27 वर्सा खातीर जीएसडीपी 1.37 लाख कोटी रुपयांचेर पावपाची आस्त आसा. केंद्रीय येवजणेतल्यान राज्याक 1357 कोटी रुपया

मेळटले, जाल्यार विशेश साहाय्य म्हूण केंद्रा कडल्यान 1600 कोटी रुपया मेळटले, अशी आस्त मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी उक्तायली.

गोंय विभागाच्यो टपाल कागाळी १२ मार्च मेरेन पणजेतल्या पोस्ट मास्टर जनरल कार्यालयांत सादर करच्यो अशे टपाल विभागांन मागलां. १८ मार्चाक जावपी ६५ व्या डाक अदालतीत ह्या प्रश्नाचेर वा हरकतींचेर न्याय निवाडो जातलो अशेय ह्या कार्यालयान कळींत केलां. ह्या डाक अदालतींत गोय राज्यासयत सांगली , कोल्हापूर , रत्नागिरी आनी सिंधुदुर्ग या महाराष्ट्रातल्या पाच जिल्ह्यांनी आशिल्ल्या टपाल विभागांचो आस्पाव आसा. संबंधीत टपाल अधिकाऱ्यांकडेन कागाळ दाखल करतकच स म्हयन्यांभितर ज्या कागळीचे निराकरण जावंक ना अश्यो कागाळी डाक अदालती मुखार सुनावणेंक येवंक पात्र थारतल्यो. डाक अदालतींत सादर जावपी सगळयो कागाळी सगळया तपशिला सयत धाडच्यो अशें ह्या संबंधींच्या खबरेंत म्हळां.

जलसंपदा खात्या वतीन मये मतदार संघातल्या फोवाची कोंड हांगासर आशिल्या व्हाळाक जोडपी संरक्षण भिंत बांधकामाचो शुभारंभ हालीच मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेन्द्र शेट यांचे हस्तुकी जालो. ह्या वेळार जिल्हो पंचायत वांगडी महेश सावंत, मयेचे सरपंच आणि हेर मानेस्त हजर आशील्ले. मये मतदार संघाच्या विंगड विंगड भागांनी उदर गतीची कामा करपाखातीर आमदार यां नात्यान आपुण कटिबद्ध आसा अशे आमदार प्रेमेंद्र शेठ हाणीं सांगले

मये मतदारसंघातल्या साष्टिवाडा हांगा बांधिल्या नवीन मसणभूयेचो लोकार्पण सुवाळो फाल्यां सकाळी 11 वरांचेर जातलो. हे वेळार आमदार प्रेमेंद शेट, जिल्हा पंचायत वांगडी महेश सावंत, सरपंच आणि हेर मानेस्त हजर आसतले. तशेच संसारिक बायला दिसानिमतान फाल्या साखळीच्या सरकारी हॉस्पिटलात बायलांखातीर खासा वैजकी शिबिराचे आयोजन केला .या शिबिरात डायबिटीस, प्रेशर, तशेच बायलांसंबंधी विंगड विंगड दुयेसां विषयी तज्ञ डॉक्टरांचे मार्गदर्शन मेळटलें. हे शिबिर खासा बायलांखातीर सकाळी नऊ ते एक या मजगती हे जातले. इत्सुक बायलांनी आपल्या नाव नोंदणी खातीर नऊ ते बारा या मजगती साखळी भलायकी केंद्राकडे संपर्क करचो अशे आवाहन साखळी भलायकी केंद्राच्या जावळणदारानी केला.

ओस्सय ओस्सयच्या गजरात व्हडा थाटामाटान पणजे शारात आयज शिगमो मिरवणूक सूरु जाली . शिगम्याच्या मिरवणुकीचे उक्तावण पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांच्या हस्तुकी जाले. ह्यावेळार पणजी शिगमोत्सव समितीचे अध्यक्ष आनी नामनेचे उद्देजक श्रीनिवास धेंपो तशेंच हेर वांगडी हाजीर आशील्ले. शिगमो हो फकत एक उत्सव न्ही.जाल्यार ती गोंयची परंपरा .ही आमच्या गोंयच्या संस्कृतायेची गिरेस्तकाय दाखोवपी उत्सव अशे ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणले.परंपरा आनी सांस्कृताय तिगयतना आधुनिक तंत्रगिन्यानाचो उपेग करून तयार केल्ले चित्ररथ हे विशेश आकर्शण आसा अशे ह्यावेळार खंवटे हांणी म्हळा.

शिगमोत्सवाच्या परेडीत पौराणीक कथेचेर आधारीत चित्ररथ, ढोल ताश्याचे पथक, रोमटामेळानी शिगम्याची परेड पळोवपाक आयील्ल्यांची मना भुलयली. हे शिवाय fancy dress ची सवंगा ह्या वेळार लोंक आर्कशित करीत मनरीजवण केले.

रवींद्र भवन सांखळी आयोजित 2 री रामदास कामत यादस्तिक सवेश नाट्यगीत गायन सर्तीची अंतिम फेरी फाल्यां सकाळी 10 वरांचेर साखळीच्या रविंद्र भावनात जातली. बायलांच्या गटात आर्या मणेरकर, वेदश्री बोरकर, रेखा गावस ,कामाक्षी कुलकर्णी ,संपदा घैसास ,सलोनी खांडेकर वाटेकर जातली तर दादल्यांच्या गटात दत्तगुरु केळकर, श्रवण मणेरकर, शिवम रायकर ,लवू गावस ,कृष्ण कन्हैया कालेकर आणि दीप आचार्य हे सहभागी जातले .हे अंतिम फेरीक संगीत रसिकांनी वडा संख्येन हजर रावचे अशें आवाहन साखळी रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमुलकर हाणीं केलां.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आणि भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे यांच्या फुडार पणा खाला, आंतरराष्ट्रीय बायला दिसा निमित्त, फाल्या राज्यातल्या सगळया सरकारी आयुष्मान भलायकी मंदिर-प्राथमिक भलायकी केंद्र, आणि सरकारी रुग्णालयांनि बायला खातीर भलायकी विशेष तपासणी शिबिरा आयोजित केल्यात. हे शिबिर "चेक्ड बाय डॉटर" या मथाळयाखाला सुरू जातले . भलायकी सेवा संचालनालय, गोवा वैद्यकीय महाविद्यालय आणि गोवा दंत महाविद्यालयाच्या अंतर्गत येवपी सगळे विभाग या उपक्रमाचो भाग आसतले. लोकांनी लागीच्या सरकारी भलायकी केंद्रात वचून या शिबिराचा लाभ घेवचो

ग्राम पंचायत साल्वादोर दो मुंदच्या प्रभाग क्रमांक II आनी ग्राम पंचायत बाळी आडणेच्या प्रभाग क्रमांक VIII च्या पोटवेंचणुके खातीर आयतारा 8 मार्च क जाहीर केल्ली भरपगारी सुटी उमेदवार बिनविरोध वेंचून आयील्यान रद्द केल्या

आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान गोंय सरकाराच्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आनी गोंय खेळां प्राधिकरण SAG न आयज ‘सृश्टी 2026’ एक भव्य खाशेलो कार्यक्रम आयोजीत केलो. ह्या कार्यक्रमाचें उक्तावण पद्मिनी फावंडेशनाची अध्यक्ष सुलक्षणा सावंत हांणी केलें. खेळां मळार गोंयाक फामाद केल्ल्या बायलांचो ह्या निमतान भोवमान केलो. ह्या कार्यक्रमांत खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयाचे संचालक डॉ. अजय गावडे उपस्थित आशील्ले. " सशक्त बायला, सशक्त राष्ट्र" या मथाल्या खाला ही कार्यावळ पणजेच्या कंपाल मैदानांर जाली.बायलांचें शक्ती, प्रतिभा आणि जिद्द हाचो गौरव करपाच्या हेतान आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत खेळां आनी सांस्कृतीक सर्तींचो मेळ दिसलो.DSYA, SAG, GFDC आणि 'खेलो इंडिया' पंगडाच्या कर्मचाऱ्यां खातीर वेगवेगळयो खेळां सर्ती आयोजीत केल्यो.उक्तावण सुवाळया उपरांत अजय गावडे हानी बायलांच्या क्रिकेट सर्तीचें उक्तावण केलें. तातूंत बायलां पत्रकार संघटना आनी राज्यभरांतल्या पंगडांनी वांटो घेतिल्लो. खेळां खात्या खातीर अर्थसंकल्पांत दिल्ल्या निधींतल्यान गोंय सरकारान 50 टक्के निधी बायलां खातीर खर्च करचो अशी अपेक्षा उक्तायतना सुलक्षणा सावंत हांणी खेळां क्षेत्रांत बायलांक नवी संद सोदून काडून तातूंत स्वताक सिध्द करचें अशें सांगलें.

मजगती पेडणें मतदारसंघाचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसाच्या आदल्या दिसा बायलां दीस उर्जा 2026 कार्यावळ घडोवन हाडली. पेडणें सावळवाडाच्या इनडोर स्टेडियमांत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत मुखेल सोयरी म्हण पद्मिनी फावंडेशनाची

अध्यक्ष सुलक्षणा सावंत, पार्श्व गायिका हेमा सरदेसाय, आमदार प्रवीण अर्लेकार, नगराध्यक्ष तृप्ती सावळ देसाय, भाजपा सरचिटणीस उषा नागवेकार, हाजीर आशिल्ले.

गोय विध्यापिठान आयोजित केल्या आंतर म्हविध्यालयीन स्तरावेल्या टी २० क्रिकेट सर्तीत नावेलीच्या रोझरी कोलेज आणि फार्मागुडीच्या पी इ एस कोलेजीनी फुडल्या फेर्येत प्रवेश मेळयलो

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान 3२.8डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २४.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.